29th June 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या

प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं

## मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणीवेल्या 'मन की बात' कार्यावळींवरवीं देश विदेशांतल्या लोकांकडेन संवाद सादतले.
- आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्राचेर आशिल्ल्या, भारतीय अंतरिक्ष यात्री शुभंशु शुक्ला हांचेकडेन, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, संवाद सादलो.
- भारताचो सामाजिक सुरक्षा कव्हरेज 19 टक्क्यावेल्यान वाडून, 64.3 टक्के जालां.
- कोलकाता लॉ कॉलेज बलात्कार प्रकरणांत, चवथ्या आरोपीक अटक. घटनेच्या चौकशेखातीर SIT पंगड केला तयार.
- बायलांच्या क्रिकेटांत, नॉटिंघमांत काल जाल्ले पांच मॅचींचे, टी-20 खेळा माळेचे पयले मॅचींत, भारतान इंग्लंडाक 97 धांवड्यांनी हारयलो.

---------------------------------------

## Maan Ki Baat

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 123वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी न्यूजनेअर मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

---------------------------------------

## पीएम स्पेस शुक्ला

आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्राचेर आशिल्ल्या, भारतीय अंतरिक्ष यात्री शुभंशु शुक्ला हांचेकडेन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, संवाद सादलो. प्रधानमंत्री मोदी हांणी तांका म्हणलें, तुमी भारतापासून सगळ्यांत पयस आसात, पूण भारतीयांच्या काळजात सगळ्यांत लागीं आसात. तुमच्या प्रवासाक लागून, नव्या युगाची शुभ सुरवात जाता. भारतांत परिक्रमा ही शेंकड्यांनी वर्सां पोरनी परंपरा आसा, आनी तुमकां धर्तरे आवयची परिक्रमा करपाची, दुर्मिळ संद मेळ्ळ्या. मोदी हांणीकॅप्टन शुक्ला हांका, ताच्या मिशनाखातीर, काळजासावन परबीं दिली. भारताचें प्रतिनिधित्व करपाक मेळे हाचो अभिमान बाळगीता, अशें कॅप्टन शुभंशु शुक्ला हाणी सांगलें. प्रधानमंत्री मोदी हांका, कॅप्टन शुक्ला हांणी सांगलें, कि भुरगेपणांत आपूण अंतरिक्ष यात्री जावंक शकता, अशी कल्पना केन्नाच करूंक नाशिल्ली. प्रधानमंत्री मोदी हांच्या फुडारपणाखाला आयचो भारत देश, लोकांक तांचीं सपनां पुराय करपाचीं जायतीं संदी दिता, अशेंय कॅप्टन शुक्ला हाणी सांगलें.

---------------------------------------

पीएम ऋषी

भारतीय परंपरे कडेन तरणाट्यांक जोडपाकखातीर जैन ऋषीनी मोलादीक योगदान दिलां अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगले. ताणी काल नवी दिल्लींत आचार्य विद्यानंदजी महाराजाच्या, जल्मशती कार्यावळीचें उक्तावण केले. तशेच जैन मुनींच्या हस्तलिखीतांचे डीजीटायजेशन करपाविशीं म्हायती दिली. भारत ही संवसारांतली सगळ्यांत पुर्विल्ली जिवी संस्कृताय आसा, अशे ताणी सांगले. तशेंच ह्या निमतान प्रधानमंत्र्यांनी, एक खाशेलें यादस्तीक नाणें आनी टपाल तिकीट जारी केले. ह्या वेळार प्रधानमंत्र्यानी म्हळा कि,

---------------------------------------

ILO - INDIA SOCIAL SECURITY

भारतान सामाजिक सुरक्षेत लक्षणीय कामगिरी केल्या. 2015 वर्सा 19 टक्के लोकांक समाजीक सुरक्षा फायदे मेळटाले, जे 2025 वर्सा 64.3 टक्के जाल्यात. ह्या वाठारांत 94 कोटी परस चड लोकांक उण्यांत उण्या एका समाजीक सुरक्षा फायद्या खाला हाडल्यात. आंतरराश्ट्रीय कामगार संघटना-

आयएलओन आपल्या आयएलओस्टॅट डेटाबेसाचेर एका दशकांतली ही अपूर्व वाड मान्य केल्या.

समाजीक सुरक्षा जाण्टेपण, दुर्येस, बेरोजगारी, अपंगत्व, मातृत्व, काम किंवा कमावत्या मनशाच्या मरणांत भलायकी जतनाय आनी उत्पन्नाची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करता. भारताचे समाजीक सुरक्षा वेवस्थेंत समाजीक विमो, कल्याणकारी फारीकणी आनी अन्न आनी आश्रय सुरक्षा अशे फायदे आसपावीत आसात. कामगार आणि रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हाणी म्हळां, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतांत समाजीक सुरक्षा मळार इतिहासीक वाड जाल्या. सोशल मिडिया पोस्टांत डॉ मांडवीया हाणी आंतरराष्ट्रीय कामगार संघटनेचे महासंचालक गिल्बर्ट हाउंगबो हांचे उपकार मानले, तांणी भारतान एक घटमूट आनी समावेशक समाजीक सुरक्षा जाळें तयार करपाच्या परिवर्तनकारी प्रवासाक वळखून ताची तोखणाय केली. भारताच्या समाजीक सुरक्षा कव्हरेजांत खूब वाड जाल्या अशें हाउंगबो हांणी सांगलें.

---------------------------------------

KOLKATA GANGRAPE CASE

अस्तंत बंगालांतल्या कोलकाता लॉ कॉलेजीच्या बलात्कार प्रकरणांतल्या चवथ्या आरोपीक अटक केल्या. कायदो म्हाविद्यालयाच्या सुरक्षा रक्षकाक काल ताब्यांत घेतला. 24 वर्सां पिरायेच्या पीडितेचेर 25 जून दिसा दक्षिण कोलकाता लॉ कॉलेजीच्या गार्ड रूमांत दोन विद्यार्थ्यांनी आनी आदल्या विद्यार्थ्यान बलात्कार केल्लो.विद्यार्थ्याचे कागाळीचेर पुलिसांनी मुखेल आरोपी मनोजीत मिश्रा, प्रोमित मुखर्जी आनी जैद अहमद हांकां अटक केली. हे घडणुकेचेर वाडत आशिल्लो संतापाच्या फाटभुयेर कोलकाता पुलिसांनी ह्या प्रकरणाची चवकशी करपा खातीर सहाय्यक आयुक्ताच्या फुडारपणा खाला पांच वांगड्याचो खाशेलो तपास पंगड तयार केला. हे घडणुकेक लागून भाजपाचो म्हाविद्यालयां कडेन वचपाचो निशेध मोर्चो थांबयल्या उपरांत तणाव वाडलो. भाजपाचे अस्तंत बंगाल युनिटाचे मुखेली सुकांत मजुमदार आनी हेर जायत्या फुडाऱ्यांक पुलिसांनी ताब्यांत घेतले. भाजपान कॅम्पसांत सुरक्षा सुनिश्चीत करपाक सरकारक अपेस आयलें अशें सांगून गुन्यांवकारांचेर बेगोबेग कारवाय करची अशी मागणी केल्या. भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष जेपी नड्डा हांणी चार वांगड्यांची समिती स्थापन केल्या आनी

ती राज्यांत भेट दिवन ह्या प्रकरणाची चवकशी करून आपलो अहवाल सादर करतली. हे समितीचे खासदार बिप्लब कुमार देव आनी मनन कुमार मिश्रा आनी आदले खासदार सत्य पाल सिंग आनी मीनाक्षी लेखी हे वांगडी आसात, अशें पक्षाचे प्रवक्ते संबित पात्रा हांणी सांगलें.

---------------------------------------

सांख्यिकी दीस

आयज Statistics म्हळ्यार 'सांख्यिकी दीस 2025' मनयतात. सांख्यिकी आनी अर्थीक नियोजनाच्या मळार, आद्यप्रवर्तक आशिल्ल्या प्राध्यापक प्रसांता चंद्र महाला-नोबिस हांच्या जल्मदीसा, दर वर्सा हो दीस मनयतात. ह्या वर्साची संकल्पना आसा '75 Years of National Sample Survey'. भारतांत पुराव्याचेर आदारीत निर्णय घेवपाक आनी विस्वासपात्र तशेच वेळार सांख्यिकी म्हायती दिवपाक, राष्ट्रीय नमुनो सर्वेक्षणाचें,म्हत्वाचें योगदान आसा. आयज नवी दिल्लींत हो दीस मनोवपा खातीर, खासा कार्यावळीचे आयोजन जातले.

---------------------------------------

कोल इंडिया

कोल इंडियाची उपकंपनी महानदी कोल-फील्ड लिमिटेड हि ओडिशांत 3 पूज्य 5 कोटी टन ताकीच्यो, दोन नव्यो कोळसो खणी सुरू करतली, अशी म्हायती MCLचे अध्यक्ष उदय काओले हांणी दिली. हे विशी आमच्या खबराकारान सांगले, कि

---------------------------------------

Cricket

बायलांच्या क्रिकेटांत काल रातीं नॉटिंघमांत जाल्ले पांच मॅचींचे टी-20 क्रिकेट माळेचे पयले मॅचींत भारतान इंग्लंडाक 97 धांवड्यांनी हारयलो. पयली फलंदाजी करून भारतान निर्धारित वीस ओव्हरींनी पांच विकेटी वगडावन 210 धांवड्यो केल्यो. स्मृती मंधानान 62 बॉलांनी 112 धांवड्यो करून परजळीत खेळी केली. टी-20 मॅचींनी मंधनाचो हो पयलो शेकडो. हरलीन देवालान 43 धांवद्याचे योगदान दिले. इंग्लंडाच्या लॉरेन बेलान तीन विकेटी घेतल्यो.

ताका जाप दितना इंग्लंडाचो पुराय पंगड चवदा ओव्हरींनी आनी पांच बॉलांनी 113 धांवड्यो करून ऑल आउट जालो. नाट शिवर बेंट हाणें 42 बॉलांनी 66 धांवड्यो केल्यो. भारताच्या श्री चरणीन चार विकेटी घेतल्यो. स्मृती मंधाना प्लेयर ऑफ द मैच म्हणून जाहीर जाली.

--------------------------------------

IMD

फाल्यां उत्तराखंड आनी उत्तर प्रदेशांतल्या पयसुल्ल्या वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण आयज बिहार, गंगेटिक अस्तंत बंगाल, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, झारखंड, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, ओडिशा, पंजाब, सौराष्ट्र, कच्छ, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंड हांगा कांय सुवातींनी उटनगराचो पावस पडूं येता. कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र आनी गुजरात ह्या दर्यादेगेवेल्या वाठारांनी फुडले स दीस हीच परिस्थिती उरतली.

देशाच्या अस्तंत, वायव्य आनी ईशान्य वाठारांनी हळुवार ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान सांगला.

--------------------------------------

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणीवेल्या 'मन की बात' कार्यावळींवरवीं देश विदेशांतल्या लोकांकडेन संवाद सादतले.
- आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्राचेर आशिल्ल्या, भारतीय अंतरिक्ष यात्री शुभंशु शुक्ला हांचेकडेन, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, संवाद सादलो.
- भारताचो सामाजिक सुरक्षा कव्हरेज 19 टक्क्यावेल्यान वाडून, 64.3 टक्के जाला.
- कोलकाता लॉ कॉलेज बलात्कार प्रकरणांत, चवथ्या आरोपीक अटक. घटनेच्या चौकशेखातीर SIT पंगड केला तयार.
- बायलांच्या क्रिकेटांत, नॉटिंघमांत काल जाल्ले पांच मॅचींचे, टी-20 खेळा माळेचे पयले मॅचींत, भारतान इंग्लंडाक 97 धांवड्यांनी हारयलो.